# केबल ऑपरेटरांनी लायटीच्या खांब्यांचो वापर करपाक ऑनलायन अर्ज करपाची सुचोवणी

ता. 27 फेब्रुवारी 2025

टेलेकॉम/इंटरनेट आनी हेर सेवा दिवपी केबल ऑपरेटरांनी आपले केबल बांदपाक वीज खात्याचे खांबे आनी हेर साधनांचो वापर करपा खातीर टेलेकॉम खात्याच्या **gatishaktisanchar.gov.in.** ह्या पोर्टलाचेर ऑनलायन अर्ज करपाची गरज आसा. वीज खाते ऑनलायन अर्जांची तपासणी करून आवश्यक शुल्क भरल्या उपरांत मेरीटाचेर मान्यताय दितले. केबल ऑपरेटरांक सेवा दिवपा खातीर वीज खात्यान उत्तर आनी दक्षीण गोंयांत दोन नोडल अधिकाऱ्यांची नेमणूक केल्या.

तशेंच केबल ऑपरेटरांनी लायटीच्या खांब्यांक केबल बांदतना सुरक्षेच्या दिश्टीन योग्य काळजी घेवपाक जाय, जेणे करून वीज खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक लायटीचे काम करतना अडचण जावपाक फावना, अशें वीज खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/178

--

----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.